**फेरीबोटीच्या स्पेशल ट्रिपीखातीर दर निश्चीत**

ता. 25 फेब्रुवारी 2020

न्हंय येरादारी खात्यान राज्यातल्या वेगवेगळ्या न्हंय येरादारी मार्गांर चलपी फेरीबोटीच्या स्पेशल ट्रिपीखातीर भाड्याचो दर निश्चीत केला. कुंभारजुवा-गवंडाळी, टोंक-सारमानस, ओल्ड गोवा-पियेदादे, वळवय-मायणा, वळवय-सुर्ला, सांपेद्र-दिवाडी, पणजी-बेती, केरी-तेरेखोल, कामुर्ली-तुयें, रायबंदर-चोडण, वाशी-आंबय, नार्वे-दिवाडी, टोल्टो-धावजी, रासय-दुर्भाट, आडपय-रासय, राय-शिरोडा आनी पोम्बुर्पा-चोडण मार्गावयल्या फेरीबोटीच्या स्पेशल ट्रिपीखातीर 250/- रूपया आनी कुट्ठाळी-मडकय मार्गावयल्या फेरीबोटीच्या स्पेशल ट्रिपीखातीर 500/- रूपया दर थारायला.

तशेंच फेरीबोटीचो/लाँचीचो आकार हिसपाक धरिनासतना सरसकट भाड्याचो दर वराक 2000/- रूपया थारायला. अर्द वरापरस कमी वेळ आसल्यार अर्द वर धरतले आनी अर्द वरापरस चड वेळ आसल्यार पुराय वर धरतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/169

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA